**दिव्यांग विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 20 ऑक्टोबर 2023

समाज कल्याण संचालनालयान दिव्यांग विद्यार्थ्यां खातीरच्या तीन केंद्र पुरस्कृत येवजणांखातीर राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती पोर्टला वरवीं अर्ज मागयल्यात. प्री-मॅट्रिक शिश्यवृत्ती - सरकार वा केंद्र/राज्य माध्यमिक शिक्षण मंडळाची मान्यताय आशिल्ल्या सरकारी शाळेत इयत्ता णववी वा धावी त शिकपी नियमित, पूर्ण वेळ विद्यार्थी ह्या शिश्यवृत्ती येवजणेखातीर पात्र आसा.

पोस्ट-मॅट्रिक शिश्यवृत्ती- मान्यताप्राप्त संस्था/विद्यापिठात इयत्ता अकरावी ते पदव्युत्तर पदवी मेरेनच्या अभ्यासक्रमां खातीर ही शिश्यवृत्ती दितात. पदवी/पदव्युत्तर पदवी वा डिप्लोमा खातीरच्या उच्च शिक्षणाखातीर शिश्यवृत्ती- मंत्रालयान अधिसूचीत केल्ले प्रमाण पदवी/पदव्युत्तर पदवी वा डिप्लोमाच्या उच्च श्रेणी शिक्षण अभ्यासक्रमां खातीर ही शिश्यवृत्ती दितात.

शिश्यवृत्ती खातीर राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर 1 ऑक्टोबर 2023 सावन नोंदणी सुरू जाल्ली आसा. शिश्यवृत्ती येवजणेविशीं चड म्हायती जाणून घेवपा खातीर www.scholarships.gov.in ह्या राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर भेट दिवची.

शिश्यवृत्ती खातीर फकत ऑनलायन अर्ज स्वीकारतले. मॅट्रिकपूर्व शिश्यवृत्ती खातीर विद्यार्थ्यांनी 30 नोव्हेंबर 2023 मेरेन आनी पोस्ट मॅट्रिक शिश्यवृत्ती आनी उच्च श्रेणी शिक्षण शिश्यवृत्ती खातीर 31 डिसेंबर 2023 मेरेन अर्ज भरपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/823

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.